Date :28/02/2026 प्रादेशिक  खबरो 7.25 am

प्रादेशिक खबरो

नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या संकल्पा सयत काल बांबोळीच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत नशामुक्त भारत अभियानाचे मुखलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण जालें.

घुंवळें वखदांआड जागृताय, घुंवळें वखदांक प्रतिबंद आनी नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या कार्यक्रमांनी वाटो घेवपाक समाजाकप्रोत्साहीत करपाच्या उद्देशान  भारत सरकाराच्या समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान गोंय सरकाराच्या पालवान ड्रग मुक्त भारत अभियाना खाला भव्य भौशीक कार्यावळ आयोजीत केल्ली. 15 ऑगस्ट 2020 दिसा देशांत राष्ट्रीय पांवड्यार  नशामुक्त भारत अभियानाक सुरवात जाल्ली. गोंयांत शिक्षणीक संस्थां, समाजीक संस्थां आनी हेर यंत्रणांच्या सहभागान घुंवळें वखदांआड जागृताय कार्यक्रमांची  अंमलबाजावणी करतात. राज्याभायल्या वाठारांतल्या जावपी धुंवळें वखदांचो वेपार थांबावपा खातीर संबंदीत यंत्रणां कडल्यान कडक कारवाय जाता.

अभियानाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोदसावंत हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला केंद्र सरकार विकसीत भारत 2047 संकल्पा सयत नशामुक्त राष्ट्र निर्माणकरपाच्या उद्देशान वावर करता. नशामुक्त भारत अभियानात युवकांचोसहभाग म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक मनशान नशामुक्त समाज निर्माण करपाक योगदान दिवपाचो उलो मारलो.

तशेंच तांणी नागरिकांनी काऊंसिलींग, पुर्नवसन, धुंवळें वखदांक बळी पडिल्ल्यांक व्यसन सोडपाक मजत करप, धुंवळें वखदांचो वेपारथांबोवपाक संबंदीत यंत्रणांक सहकार्य करपाची मागणी केली. धुंवळेंवखदांचे व्यसन सोडून बऱ्या मार्गाक लागील्ल्या मनशाचेय तांणी अभिनंदन केले.

नेटझ्सच 110

भारतांत दोन दशकां सुरू जाल्ल्या कार्यावळींची परब मनयतना नेटझ्सच पंप अँड सिस्टम्स इंडिया कंपनीन काल  गोंयच्या वेर्णा उद्देगीक इस्टेटांत आशिल्ल्या आपल्या नव्या उत्पादन सुविधेचें उक्तावण केलें. ह्या सुविधेचें औपचारीक उक्तावण गोंयचे मानादीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केले  . हयावेलार उद्देग मंत्री मौविन गोडिन्हो आणि गोवा औद्योगिक उदारगता महामंडळ (GIDC) चे वरिष्ठ अधिकारी हाजीर आशील्ले

सुशांत 110

जिल्हयांत चालीक लायिल्ल्या केंद्रीय येवजण्यांच्या वावराचो नियाळ घेवपा खातीर स्थापन केल्ले जिल्लो उदरगत समन्वय आनी निरिक्षण समितीची म्हळ्यारच दिशा समितीची तिसरी बसका आयज मडगावच्या जिल्होधिकारी कार्यालयात जाली. ह्यावेळार राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हे बसकेचे अध्यक्ष आसले. ह्या वेळार वेगवेगळ्या केंद्रीय येवजणा‌े चालीक लावपाच्या कामाचो नियाळ घेतलो. दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांणी आयज वेगवेगळ्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांची आनी थळाव्या

स्वराज्य संस्थांच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेतली. अशी

बसका तीन म्हयन्यांनी एक फावट जाता अशी म्हायती

तानावडे हांणी उपरांत दिली. केंद्रान जिल्हयांत चालीक लायिल्ल्या येवजण्यांचो फाटपुरावा‌े करप आनी ह्यो येवजण्यो चालीक लावपाक कसल्योय अडचणी आसात काय ना हाचेर बसकेंत चर्चा जाली. ह्या येवजण्यांचो फायदो लोकांमेरेन पावचो हे खातीर कसले उपाय करचे हाचेरय ह्यावेळार मार्गदर्शन केलें.

गणेश’120

बुनियाद, खांबे उबारून जाल्ल्यान गवंडाळे पूलाचे लागी लागी

70 टक्के काम पुराय जालां. पिलारावेर स्लॅब घालपाचो वावर

बेगिनूच सुरू जातलो, अशी म्हायती गोंय मुळाव्या सादनसुविदा उदरगत म्हामंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

थळावे आमदार राजेश फळदेसाय हांचे सयत जीएसआयडीसी

आनी कोकण रेल्वेच्या अधिकाऱ्यांनी कामाची पळोवणी केली.

स्तो दुरूस्त करपा सयत सुरक्षेचे उपाय घेवपाचे आदेश

अधिकाऱ्यांनी कंत्राटदाराक दिल्या. पुलाच्या कामाची गती योग्य आसा. 60 ते 70 टक्के काम पुराय जालां. आता खांब्यांचेर स्लॅब घालपाचे काम सुरू जातलें. स्लॅब घातले उपरांत वयर रस्तो करचो पडटलो. मार्च, एप्रिल

मेरेन पुलाचे काम पुराय जाले जाल्यार मे म्हयन्यात रस्त्यांची कामा जातली, अशें आमदार राजेश फळदेसाय हांणी सांगलें.गवंडाळी रेल्वे उड्डाण पुला खातीर 40 कोटी खर्चाची निविदाजारी जाल्या. हो पूल जाले उपरांत माशेल, आमोणा, साखळे आनी सत्तरी म्हालातल्या लोकांची खूब सोय जातली.

**हवामान 45**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.८ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.४ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले आयज सांजे सात जावण 2० मिंनटाचेर इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या